# गुदांवांतसांठोतपासणी करपा खातीर खासा पंगडाची स्थापना

पणजी, 31 मार्च,2020

पुरवणदार / घावूक विक्रेत्यांचो गुदांव उकतो करून सांठ्याची प्रत्यक्षांत तपासणीकरपा खातीर राज्य सरकारान नागरी पुरवण, वाणिज्य कर आनी वैद्य मापविद्या निरिक्षकांचो एक खासपंगड घडयला.

अत्यावश्यक वस्तू कायदो 1980 आनी हेर संबंदीत अधिनेमाच्या काळ्या बाजाराचेर आळाबंद आनी म्हाल पुरवण सांबाळपा अंतर्गत कसल्याय प्रकारचो म्हाल सांठयल्यार तांच्या आड कारवाय करपाचो अधिकार ह्या पंगडाक दिला.

म्हाल सांठोवन दवरूंक आनी दरवाड करपा खातीर किरकोळ विक्रेत्यांनी आनी पुरवणदारांनी मुद्दाम आपलो वेवसाद बंद दवरला अशी कागाळ नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान केल्ल्यान हो खासा पंगड घडयला.

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA